# प्रज्ञासोद परीक्षेखातीर बारा तालुका केंद्रां

ता. 23 ऑक्टोबर 2017
1 कार्तिक 1939

राज्य शैक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान आयतार ता. 5नोव्हेंबर 2017 दीसा आयोजित केल्ल्या इयत्ता 10 वी च्या विद्यार्थ्यांखातीर राज्य स्थरीय राष्ट्रीय प्रज्ञासोद परीक्षा 2017-18 आनी इयत्ता 7 वी च्या विद्यार्थ्यांखातीर राष्ट्रीय गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण परीक्षेखातीर बारा तालुका केंद्राची निवड केल्या. सकाळी 9.00 ते दनपरा 12.00 वरांमेरेन अवर लेडी ऑफ ग्रेस हायस्कूल, दिवचल, ज्ञानप्रसारक विद्यालय, म्हापसा-बार्देस, सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय, पेडणे, सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय,वाळपय, सत्तरी, मेरी इमॅक्यूलेट गर्ल्स हायस्कूल, पणजी-तिसवाडी, आल्मेदा हायस्कूल, फोंडा, सरकारी मल्टिपर्पज हायर सेकंडरी मडगाव-साश्ट, युनियन हायस्कूल सांगे, मल्लीकार्जून विद्यालय, काणकोण, सर्वोदय एज्यु केशन संस्था, कुडचडे-केपे, सरकारी मुळावी शाळा, मामलेदार कार्यालयासामकार, धारबांदोडा, रेजिना मुंडी हायस्कूल, चिकली वास्को-मुरगाव हया केंद्राचेर परीक्षा जातली.

उमेदवारांनी आपल्या प्रवेश कार्डासयत परीक्षा सुरू जावचे अर्धवर पयली केंद्राचेर हजर रावचे.